# राष्ट्रीय लश्कर महाविद्यालय प्रवेश परीक्षे खातीर अर्ज

ता. 13 जानेवारी 2025

देहराडून उत्तराखंड हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयांत इयत्ता 8 वीच्या वर्ग प्रवेशाखातीर खंयच्याय मान्यताप्राप्त शाळेत इयत्ता 7 वीच्या वर्गात शिकपी वा इयत्ता 7 वी उत्तीर्ण चलें आनी चली विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. प्रवेश परीक्षा संबंदीत राज्यांतल्या निवडक केंद्रांचेर आयतार ता. 7 जून 2026 दिसा जातली.

प्रवेश परीक्षेखातीर उमेदवारांची पिराय साडे अकरा वर्सां ते तेरा वर्सां मजगती आसपाक जाय, म्हणजे उमेदवाराचो जल्म 2 जानेवारी 2014 पयली आनी 1 जुलय 2015 उपरांत जाल्लो आसपाक जायना. गणीत, सर्वसामान्य ज्ञान आनी इंग्लिश विशयाची लेखी परीक्षा जातली. तोंडी परीक्षेची तारीख आनी वेळ उपरांत कळयतले. परीक्षेचो निकाल राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर अपलोड करतले.

सध्या वर्सुकीं शुल्क सर्वसामान्य वर्गांखातीर 98650/- रूपया आनी एससी/एसटी उमेदवारांखातीर 81850/- रूपया आसा जी वाडपाक शकता. प्रवेशा वेळार 50,000/- रूपया सुरक्षा ठेव भरपाक जाय जी छात्र महाविद्यालयातल्यान पदवीधर जाल्या उपरांत परत करतले.

विहित नमुन्यातले प्रतीरूप अर्ज दोन पासपोर्ट आकाराची छायाचित्रां, उमेदवाराचो राबीतो दाखलो, जल्म दाखलो, एससी/एसटी दाखलो, छायाचित्रासयत जल्म तारीख आनी शिकपी वर्गाची प्रमाणीत म्हायती दिवपी शाळा मुख्याद्यापकांचो दाखलो, आधार कार्डाची फोटोकॉपी (दोनीय वटेनच्यान) दाखल्यासयत संबंदीत राज्य सरकाराकडेन ता. 5 एप्रिल 2026 मेरेन अर्ज पावपाक जाय. अर्ज राज्य सरकाराक धाडपाक जाय, न्हय राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाक, हांची नोंद घेवची.

म्हायती पुस्तिका तथा विहित नमुन्यातले अर्ज आनी पोरण्या प्रस्नपत्रीकांची पुस्तीका सर्वसामान्य वर्गांतल्या उमेदवारांनी 600/- रूपया आनी एससी/एसटी उमेदवारांनी खातीर 555/- रूपया राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर ऑनलायन भरून मेळोवची. तशेंच द कमांडंट, राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालय, देहराडून, एचडीएफसी बँक, बल्लुपूर चौक, देहराडून (बँक कोड-1399) उत्तराखंड- 248003 ह्या नाम्याचेर वयल्या रक्कमेचो डिमांड ड्राफ्ट काडून मेळोव येता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/128

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.